**Time : 3 Hours** **KONKANI (T.L.)**

**Subject Code**

| S | 1 | 1 | 3 | 2 |
|---|---|---|---|---|

**Total No. of Questions : 75 (Printed Pages : 12) Maximum Marks : 80**

**सुचोवण्यो :** (*i*) प्रस्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

(*ii*) उजवे वटेन बरयल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.

**सकयल दिल्लो उतारो पाठाचेर आधारीत आसा. उतारो वाचून सकयल दिल्ल्या प्रस्नाच्यो जापो बरयात.**

शिगम्याचे खेळगडे ज्या आंगणात खेळटात थंय ''आरत'' हो प्रकार सादर करतात. आरत म्हणल्यार नाल्ल, पानाचो विडो, साखर नाजाल्यार गोडाचो खडो. पानाच्या विड्याचेर पयशे आपले तांकीप्रमाणे दवरतात. एकाद्री सवायशीण बायल हें भरिल्लें ताट घेवन आंगणात येता आनी खेळगड्याच्या हातांत आरत दिता. एकाद्रया देवाचें नांव मर्दी घालून ''आरत दिल्ल्या कुळाक जतन राख'' असो तोंडभर आशिर्वाद खेळगडे त्या घराक दितात. दक्षिण गोंयांत चडकरून असोच प्रकार सगळेकडेन जाता जाल्यार उत्तर गोंयांत धोल, तासो, अबदागिरी नाचोवपाचो प्रकार चलता. ताका ''रोमट'' अशें म्हणटात.

1. आरत म्हणल्यार कितें ? 1

2. खेळगड्यांच्या हातांत आरत कोण दिता ? 1

3. रोमट म्हणल्यार कितें ? 1

4. आरत हो प्रकार खंय सादर करतात ? 1

**सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो पर्याय विधानामुखार जोडून वाक्य पुराय करून बरयात.**

5. राजन आनी हेलन कर्कश वाजप लावन ........................................ 1

- तियात्राचे सर्तीची तयारी करतालीं.
- गायनाचे सर्तीची तयारी करतालीं.
- कार्नावालाचे सर्तीची तयारी करतालीं.
- नाचाचे सर्तीची तयारी करतालीं.

6. जायतो लोक शेजाऱ्याचे खबरेक येता आनी ........................ 1

- ताच्या घरच्यांक आदार करतात.
- ताची खूब काकूळट करतात.
- ताका दोतोरागेर व्हरतात.
- वाळू पेचून चुरचुरतात.

7. सोनिया खुशबुच्या भेंडाक बांदिल्लो दुपट्टो घेवन ............................. 1

- रूळावयल्यान धांवत सुटलें.
- गांवादिकेन धांवत सुटलें.
- शेताबांदावयल्यान धांवत सुटलें.
- रस्त्यावयल्यान धांवत सुटले.

**सकयल पाठांतलीं विधानां दिल्यांत. ताच्या सकयल पाठांच्या बरोवप्यांचीं नांवां दिल्यांत. तीं वळखून बरयात.**

8. आमी कलेच्या आड केन्नाच नात. 1

- सखाराम शेणवी बोरकार.
- हेमा नायक.
- मधुसूदन बोरकार.
- भालचंद्र गांवकार.

9. कॅन्सर जावंक ना पूण एकदीस जायतूय बी. 1

- प्रो. लक्ष्मणराव सरदेसाय.
- अजित पैंगिणकार.
- फेलिसियु कार्दोज.
- एन. शिवदास.

**सकयल दिल्लीं खंयचींय तीन विधानां कोणे कोणांक म्हणल्यांत तीं अचूक जाप सोदून काडून बरयात.** 3

10. ''भायर सगळी तयारी जाली गो बाय ?''

- मंदाकिनीन प्रणिताक विचारलें.
- दादीन मंदाकिनीक विचारलें.
- प्रतापान मंदाकिनीक विचारलें.
- दादीन प्रणिताक विचारलें.

11. ''जीब भायर काड पळोवया.''

- नातीन लक्ष्मणराव सरदेसायाक म्हणलें.
- लक्ष्मणराव सरदेसायान दोतोराक म्हणलें.
- सुनेन लक्ष्मणराव सरदेसायाक म्हणलें.
- दोतोरान लक्ष्मणराव सरदेसायाक म्हणलें.

12. ''एक भारतीय म्हूण तुका कितें दिसता ?''

- कल्पना चावलाक नासाच्या अधिकाऱ्यान विचारलें.
- कल्पना चावलाक भारतीय पत्रकारान विचारलें.
- कल्पना चावलाक विध्यापिठांतले शिक्षिकेन विचारलें.
- कल्पना चावलाक भारतीय अधिकाऱ्यान विचारलें.

13. "देखूनच आमी फोडटात त्यो. आपणाल्यो म्हणून कोण फोडटात ?"

- तरणाट्यांनी गोरवां राखण्याक विचारलें.
- जाणटेल्यान गोरवां राखण्याक विचारलें.
- तरणाट्यांनी जाणटेल्याक विचारलें.
- जाणटेल्यान शेजाऱ्याक विचारलें.

14. "हय तर! वादळ वाऱ्याक लागून जायत्यो आपत्ती येतात".

- सरान सुरेखाक म्हणलें.
- सरान उषाक म्हणलें.
- सरान नेहाक म्हणलें.
- सरान सोनियाक म्हणलें.

**सकयल दिल्लीं खंयच्याय <u>चार</u> प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 8-10 उतरांनी बरयात :** 4

15. बरोवप्यान न्हिदतना केल्लो निर्धार कितलो वेळ तिगतालो ?
16. केशवान कसली गजाल मनाक लावन घेतिल्ली ?
17. फ्रांसिश्कु गॉमिशान पुर्तुगेज आनी फ्रांसेज भाशेंत कितलीं पुस्तकां बरयलीं ?
18. जाणटेलो कोणाक सोदपाक शिळोण्या वतालो ?
19. भुरगेपणांत रातचें आंगणात न्हिदतना कल्पनाक कसली संवंय आसली ?
20. ज्वालामुखी म्हणल्यार कितें ?

**सकयल दिल्लीं खंयच्याय <u>दोन</u> प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 40-45 उतरांनी बरयात :** 8

21. नवो सोमार येता म्हणल्यार पणसाचें काळीज कित्याक कलकलतालें ?
22. सायमनान बुडटल्या भुरग्याक कसो वाटायलो ?
23. हॉलंडाक वाऱ्याचो देश अशें कित्याक म्हणटात ?
24. जमनीकडेन आमचें नातें कित्याखातीर तुटलां अशें बरोवप्याक दिसता ?

**सकयल ''ब'' गटांत कवितेचीं कडवीं दिल्यांत आनी ''भ'' गटांत तांचो अर्थ दाखोवपी वाक्यां दिल्यांत. त्या कडव्यांमुखार योग्य अर्थ बरोवन वाक्यां जुळयात.** 2

| 'ब' | 'भ' |
|---|---|
| 25. आडमेळ्यांचे वाग नाग मुखार मेळटले. | * दीस रात ल्हारांचो आवाज येता. |
| 26. फुट्टा येवन देगेर दीस रात कितलीं ल्हारां. | * वाग नाग येवन आमचेर घुरी घालतले. |
| | * रात दीस खूब ल्हारां येवन देगेर आदळटात. |
| | * वाग नागाच्या रूपान संकश्टां मुखार येतलीं. |

**सकयल दिल्ल्या कवितेंतल्यां रित्या सुवातीनी, ताच्या सकयल दिल्लो फावो तो पर्याय वापरून पुराय वळ परत बरयात :** 2

27. म्हज्या समेस्त पेल्यांक खळखळ ................ दियात.

- शितळसाण
- थंडसाण
- मोवसाण
- नितळसाण

28. हायस तुयस करचें सोडून .................... वचचें.

- आलतडी
- पलतडी
- तडीर
- देगेर

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>दोन</u> प्रस्नांच्यो अचूक जापो सोदून काडून बरयात.** 2

29. मांयमुखार आमी कितें दाखोंवंक फावना ?

- मांयमुखार आमी नेट दाखोंवंक फावना.
- मांयमुखार आमी गर्व दाखोंवंक फावना.
- मांयमुखार आमी मिजास दाखोंवंक फावना.
- मांयमुखार आमी झेत दाखोंवंक फावना.

30. सैम केन्ना उमाणी घालीत रावता ?

- सैम खिणा खिणाक उमाणी घालीत रावता.
- सैम परत परत उमाणी घालीत रावता.
- सैम पावला पावलाक उमाणी घालीत रावता.
- सैम दीस रात उमाणी घालीत रावता.

31. कवी पावित्र्यांत फुलपाची अमोघ शक्ति कोणाकडेन मागता ?

- कवी पावित्र्यांत फुलपाची अमोघ शक्ति अग्निलागीं मागता.
- कवी पावित्र्यांत फुलपाची अमोघ शक्ति दर्यालागीं मागता.
- कवी पावित्र्यांत फुलपाची अमोघ शक्ति मळबालागीं मागता.
- कवी पावित्र्यांत फुलपाची अमोघ शक्ति धर्तरेलागीं मागता.

**सकयल दिल्लीं खंयच्याय <u>तीन</u> प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 20-25 उतरांनी बरयात.** 6

32. कवी वडाक सासणाचो काळ वड अशें कित्याक म्हणटा ?

33. ''आत्मो आमचो एक'' हे कवितेंत कवी कितें सांगूंक सोदता ?

34. ''चान्न्याचे रातीं'' हे कवितेंत कवी केन्ना आनी कशे तरेन नाचुया गावया म्हणटा ?

35. ''दिसता तरीं आवळनात मरणाचे पास रे'' हे वळीचो अर्थ स्पश्ट करात.

**सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार ताच्या सकयल दिल्लो फावो तो वाक्प्रचार सोदून बरयात.** 2

36. धरणाचें उदक आयिल्ल्यान शेतां <u>नश्ट जालीं</u>.

- नशिबाक दोश दीवप.
- जीव पावणेर काडप.
- मातयेभरवण जावप.
- वायट मार्गाक लागप.

37. भुरगीं खूब <u>कश्ट करून</u> शिकतात.

- सपना भंगप
- उमेद येवप
- खोस तोंडार उदेवप
- रातीचे दीस करप

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>दोन</u> उरफाट्या अर्थाचीं उतरां वळखून बरयात.** 2

38. बोवाळ

- खेट
- कलकलाट
- शांत
- आकांत

39. लार्गी

- तेकून
- पयस
- कुशीक
- बगलेक

40. बारीक

- बारीकसाण
- मोटाय
- मोटेपण
- मोटो

41. म्हारग

- सवाय
- म्हारगाय
- सुवाय
- म्हारगी

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांची योग्य विशेशणां वळखून बरयात.** 2

42. धादोस

- धादोसकाय
- धादोसपण
- धादोसताय
- धादोशी

43. सुरबूसाण

- सुरबूस
- सुरबूसताय
- सुरबूसकाय
- सुरबूसी

44. काळोख

- काळोकीट्ट
- काळसाण
- काळखी
- काळ

45. दाटाय

- दाटपण
- दाट
- दाटसाण
- दाटसर

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>दोन</u> उतरांची योग्य भावनामां वळखून बरयात :** 2

46. जड

- जडसाण
- जडपण
- जडवीक
- जडविताय

47. भव्य

- भव्यकाय
- भव्यपण
- भव्यताय
- भावी

48. शांत

- शांतताय
- शांतीताय
- शांतपण
- शांतीकाय

49. सादें

- सादेशें
- सादेंसुदें
- सादूरताय
- सादेंपण

**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>स</u> वाक्यांनी कंवसांत दिल्ल्या सुचोवणेप्रमाण बदल करात.**

6

50. <u>भुरगीं</u> मैदानार धांवचेल्यांनी <u>खेळटालीं</u>. (आडी मारिल्ल्या उतरांची जात बरयात)

51. व्यायाम केल्ल्यान आंग बरें घोळटा. (अव्यय वापरून दोन विधानां करात)

52. अंदू गोंयांत कमी पावस पडलोना. (अर्थ बदलिनासतना वाक्य हयकारी करात)

53. म्हाका वाडदिसाक भावान भेटवस्तू दिली. (लिंग बदलून वाक्य परत बरयात)

54. घरामुखार सोबीत झाडां आसलीं. (वचन बदलून वाक्य परत बरयात)

55. बाजारांत खूब गर्दी आसा. (काळ वळखात)

56. चिंतून रजा प्रणितान घेतिल्ली सात-पांच आयज.

(पाठाच्या आदारान उतरांची योग्य मांडणी करून वाक्य परत बरयात)

57. बेगीन बायर सर नाझाल्यार उशीर जातलो. (वाक्य शुद्ध करून परत बरयात)

**सकयल दिल्लीं खंयचींय <u>दोन</u> अव्ययां वापरून दरेकी एक-एक वाक्य घडोवन बरयात.** 2

58. परस.

59. आवयस!

60. थंय.

61. देखून.

62. "**उदकाचो सांबाळून वापर करप**" ह्या विशयाचेर दोन इश्टांमदीं जाल्लो संवाद **7-8** वळींनी बरयात. 4

**सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नाच्यो जापो बरयात.**

भलायकी हीच खरी गिरेस्तकाय. आयच्या धावपळीच्या युगांत ल्हानापासून व्हडांमेरेन सगळ्यांनी आपले भलायकेची जतनाय घेवंक जाय. आमची कूड घटमूट आनी निरोगी करपाक आमी पौश्टीक खाण-जेवण, फळ फळावळ तसोच भाजीपालो खावंक जाय. तेन्नाच आमकां काम करपाक बरी उर्जा मेळटा आनी आमची रोगां आड झगडपाक जाय आशिल्ली प्रतिकारशक्तूय वाडटा. ज्या खाणांतल्यान आमकां जिवनसत्व, खनीज, लोह, कॅल्शियम सारके घटक मेळटात तसलीं खाणां आमी खावचीं. आहारा बरोबर व्यायाम, योगा नियमितपणान करप तितलेंच गरजेचें आसा.

63. आमची कूड घटमूट आनी निरोगी करपाक आमी कितें खावंक जाय ? 1

64. भलायकेची जतनाय कोणें घेवंक जाय ? 1

65. आहारा बरोबर कितें गरजेचें आसा ? 1

66. खरी गिरेस्तकाय कितें ? 1

67. रोगा आड झगडपाक आमकां कसले शक्तिची गरज पडटा ? 1

68. **सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचो कोंकणीत अणकार करून बरयात.** 2

Time has a great importance in our lives. Wise use of time enables us to achieve success with ease.

69. **सकयल दिल्ल्या मुद्द्यांच्या आदारान योग्य नांव आनी देख दीवन काणी बरयात.** 5

एक शेतकार .................. पोरसूं लावप ............... दीसभर पोरसांत वावर करप ........... सारें उदक घालप .................. पोरसाभोंवतणी वंय करप ................. पीक जाल्लें पळोवन खुशालभरीत जावप ..................... अकस्मात दुयेंत पडप ........................ पूताक पोरसाचेर नदर दवरूंक सांगप .......................... पूतान आयकप ना .......................... आळशिपणां करप ................ नदर नाशिल्ल्यान पोरसाची वाट लागप .................. शेतकाराचें कश्ट फूकट वचप .................... उपार्शी रावपाची पाळी येवप .......................... पूताक आपली चूक कळप ....................... कश्टाचें मोल कळप ...................... देख.

70. तूं नील/निला देसाय रावता, घर नं. 56, वयलो वाडो, कुर्टी. फोंडें गोंय ह्या नाम्यार. थंयसावन तुज्या भावाक निबंद सर्तींत पयलें इनाम मेळ्ळां, म्हणून ताका परबी दिवपी चीट बरय. 5

**वा**

71. तूं लियो/लविना डिसूजा रावता घर नं. 23, शांतीनगर, मडगांव गोंय हांगा. तुमच्या वाठारांत जळारी खूब वाडल्यात, तेखातीर फावो तो उपाय घेवपाची विनंती करपी चीट भलायकी खात्याच्या संचालकाक बरय.

**सकयल दिल्ल्या <u>खंयच्याय एका</u> विशयाचेर सुमार 150 ते 200 उतरांनी निबंद बरयात :** 7

72. म्हजें फुडाराचें सपन.

73. क्रिकेट टी–20 विश्वचषक 2024.

74. पुस्तकाची आपजीण.

75. अभयारण्यांत एक वर.